# नागरी सेवा  खेळां पंगड  निवड चाचणी

ता. 9  डिसेंबर 2024

केंद्रीय नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळ आनी एनसीटी दिल्ली सरकार हांच्या जोड पालवान राजधानी शारांतल्या विविध थळांचेर 16  डिसेंबर  ते 10  जानेवारी 2025  मेरेन  अखिल भारत नागरी सेवा बॅडमिंटन, क्रिकेट, बास्केटबॉल, कबड्डी आनी टेबल टेनिस खेळां सर्तींचे आयोजन करपात येतले.

ह्या खेळां सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाक   पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान फुडलें प्रमाण निवड चाचणींचे आयोजन केला.  टेबल टेनिस 10 डिसेंबर कांपाल इंडोर स्टेडियम,  बॅडमिंटन 20  आनी 21  डिसेंबर कांपाल इंडोर स्टेडियम, बास्केटबॉल 20  डिसेंबर मिरामार युथ हॉस्टेल,  कबड्डी 18  डिसेंबर सर्किट हाऊस,  आल्तिन पणजी आनी क्रिकेट 17  आनी 18  डिसेंबर 2024  दिसा कांपाल उकत्या मैदानाचेर निवड चाचणी जातली.

सरकारी खात्यांचे नियमीत कर्मचारी आशिल्ल्या इत्सुक खेळगड्यांनी खात्याच्या मुखेल्यान सय केल्ले वळखपत्र आनी खेळपाच्या सामानासयत सकाळी 9.30  वरांचेर निवड चाचणेच्या थळार एसएसओ श्री.  अनंत सावळ  (9975120049) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/    / विगां/ 2024/682

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.